१३-०१-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जम्मू आनी काश्मीरातल्या सोनमर्ग बोगदा प्रकल्पाचे उक्तावण करतले.

पौष पौर्णिमेच्या अमृत स्नानान आयज प्रयागराजात संवसारातलो सगळ्यात व्हड आध्यात्मिक आनी सांस्कृतिक मेळो, महाकुंभाक जाली सुरवात.

आयज उत्तर भारतात लोहरीचो कापणीचो सण व्हडा उमेदीन मनयतात.

इराण आनी तीन युरोपीय देशांमदलो अणुप्रस्नाच्या चर्चेचो तिसरो पावंडो आयज स्वित्झर्लंडातल्या जिनिव्हात परतून सुरू जातलो.

उत्तर भारतात शियाचे ल्हार चालूच उरतले असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

खो-खो संवसारीक कप २०२५ सर्त आयजसावन नवी दिल्लीतल्या इंदिरा गांधी इनडोअर स्टेडियमात सुरू जाता.

प्रधानमंत्री - १५०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जम्मू आनी काश्मीरातल्या सोनमर्ग बोगदा प्रकल्पाचे उक्तावण करतले. ह्या बोगद्याक लागून लेह मार्गातल्यान श्रीनगर

आनी सोनमर्ग मजगती सगल्या हवामानात संपर्क करप शक्य जातले. प्रधानमंत्री बोगदा बांधकाम कामगारांक मेळतले आनी ह्या अभियांत्रिकी कामगिरीत तांणी दिल्ल्या योगदानाविशी तांका प्रोत्साहन दितले. सुमार १२ किलोमीटर लांबायेच्या सोनमर्ग बोगद्याच्या बांधकामाखातीर दोन हजार सातशे कोटी रुपयांपरस चड खर्च आयला. तातूंत सोनमर्ग मुखेल बोगदो, एक्झिट बोगदो तशेच अप्रोच रोडचो आस्पाव आसा. ह्या बोगद्याक लागून लडाखात सुरक्षित आनी अखंड प्रवेश मेळतलो आनी तेच बरोबर भूंयकांप आनी पालसण कोसळप हांचेपसून मार्गांची राखण जातली. हाका लागून पर्यटकांक वर्सभर सोनमार्गाक भेट दिवपाक मेळटली, जाका लागून गिमाच्या दिसांनी पर्यटन, साहसी खेळ आनी थळाव्या उदरनिर्वाहाक लेगित चालना मेळटली. ह्या बोगद्याच्या बांधकामाक लागून वाहनांची गती ताशी ३० किमी वेल्यान ७० किमी मेरेन वाडटली. हाकालागून संरक्षण रसद, आर्थिक उदरगत आनी जम्मू मजगती जोडणी हेखातीर मजत जातली. तशेच ह्या प्रकल्पाक लागून जम्मू काश्मीर आनी लडाखात सामाजिक-सांस्कृतिक एकात्मतायेक लेगित चालना मेळतली.

दिल्ली विधानसभा - ३०

दिल्ली विधानसभा वेचणूकेखातीर भारतीय जनता पक्षान मुस्तफाबाद मतदारसंघातल्यान आमदार मोहन सिंह बिश्ट हांका उमेदवारी दिल्या. पक्षान शेनवारा २९ उमेदवारांची दुसरी वळेरी जाहीर केल्ली. पक्षान आतामेरेन एकूण ७० विधानसभेतल्या ५८ सूवातांखातीर उमेदवारांची घोषणा केल्या.

जयशंकर - ५०

विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आयज स्पेनच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यावर वतले. विदेशमंत्री जाल्याउपरांत तांचो हो पयलोच स्पेन दौरो आसतलो. ह्या भेटीवेळार, डॉ. जयशंकर स्पेनचे विदेश मंत्री मॅन्युएल अल्बारेझ हांचेकडेन द्‌विपक्षीय संबंध आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतिक मुद्द्‌यांचेर चर्चा करतले. डॉ. जयशंकर स्पेनच्या राजदूतांच्या ९ व्या वर्सूकी परिषदेत लेगित उलोवप करतले आनी भारतीय समुदायाची लेगित भेट घेतले.

महाकुंभ - ९०

पौष पौर्णिमेच्या अमृत स्नानान आयज प्रयागराजात संवसारातलो सगळ्यात व्हड आध्यात्मिक आनी सांस्कृतिक मेळो, महाकुंभाक सुरवात जाल्या. गंगा, यमुना आनी सरस्वती न्हयांचो संगम आशिल्या त्रिवेणीच्या वेगवेगळ्या घाटांचेर लाखानी भाविक, यात्रेकरू आनी पर्यटक पवित्र स्नान करीत आसात. हो भव्य सुवाळो २६ फेब्रुवारी महाशिवरात्रीमेरेन सुरू आसतलो. १४४ वर्सातल्यान फकत एकदाच घडपी एक दुर्मिळ खगोलीय योगायोग ह्यावर्सा महाकुंभाचे महत्त्व आनीक वाडयता. काल सुमारे ५० लाख भाविकांनी त्रिवेणी संगमात स्नान केले. धार्मिक स्नाना सोडल्यार, लाखानी भाविक संगमाचेर कल्पवासाच्या प्राचीन परंपरेचेय पालन करतले. प्राचीन मान्यतायेप्रमाण, भाविक माघ पौर्णिमेमेरेन महिनोभर निर्धारीत अनुष्टानांचे खरपणान पालन करून कल्पवास करतात. कुंभमेळ्याखातीर खर सुरक्षा व्यवस्था केल्या.

लोहरी -  ७०

आयज लोहरीचो कापणीचो सण खासा करुन उत्तर भारतातली राज्या पंजाब, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, दिल्ली, जम्मू आनी चंदीगडात मनयतात. आयजसावन सूर्य उत्तर गोलार्धाकडेन आपलो प्रवास सुरू करत आशिल्ल्यान, लोहरी गिमातल्या लांब रातीक येवकार दिवन गरमेच्या व्हड दिसांचे स्वागत करता. लोहरीकडेन संबंधित सगळ्या लोकप्रिय परंपरा म्हळ्यार शेकोटी पेटवप, जी वायट गजालींचो नाश करता आनी सौभाग्याच्या आगमनाचे ते प्रतीक जावन आसा. हो सण खासाकरुन पीक कापणी आनी सूख हांचेकडेन संबंधित आसा.

राष्ट्रपती - १००

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हांणी आयजच्या लोहरी आनी फाल्याच्या मकर संक्रांती, पोंगल आनी माघ बिहू सणांनिमतान परबी भेटयल्या. हे सण देशाच्या समृद्ध सांस्कृतिक दायजाचे प्रतीक आसात आमी दर एकल्याच्या जीणेत उत्साह आनी खोस हाडतात अशें राष्ट्रपतींनी आपल्या संदेशात म्हळा. हे सण देशाच्या वेगवेगळ्या प्रदेशांत वेगवेगळ्या स्वरूपात मनयतात आनी निसर्गाकडेन जोडील्ले आसा ही भावना निर्माण करतात, अशेंय राश्ट्रपतीनी म्हळे. ह्या सणांच्या दिसानी लोक पवित्र न्हंयानी  स्नान करुन दानधर्म लेगित करतात. हे सण पिकांकडेन संबंधित आसात. हे सण दर एकल्याच्या जीणेत खोस आनी समृद्धी हाडतले आनी देशाक विकसित राष्ट्र घडोवपाखातीर चड उमेदीन एकठांय येवन वावुरतले अशी आस्त लेगित राश्ट्रपतीनी हेवेळार उक्तायली.

खो-खो - १००

खो-खो संवसारीक कप २०२५ आयजसावन नवी दिल्लीतल्या इंदिरा गांधी इनडोअर स्टेडियमात सुरू जाता. भारतीय ऑलिंपिक असोसिएशनान आयोजित केलेल्या ह्या सर्तीच्या उक्तावणाच्या खेळात दादल्यांचे २० आनी १९ बायलांचे पंगड वाटेकार जातले. खो-खो फेडरेशन ऑफ इंडियान दादले आनी बायलांचे ह्या सर्तीखातीर १५ वांगडी पंगडाची घोषणा केल्या. प्रतीक वायकरच्या फुडारपणाखाला

भारतीय दादल्यांचो पंगड अ गटात नेपाळ, पेरू, ब्राझील आनी भूतान ह्या पंगडावांगडा आसा. तर प्रियांका इंगळेच्या फुडारपणाखाला बायलांच्या पंगडाचो अ गटात इराण, मलेशिया आनी कोरिया प्रजासत्ताक बरोबर आस्पाव केला. चारुय गटांतले पयले दोन पंगड उपांत्यपूर्व फेरीखातीर पात्र थारतले. निमणो खेळ १९ जानेवारीक जातलो.

आज दादल्यांचो भारतीय पंगड राती ८.३०क नेपाळआड खेळतलो. ह्या खेळाचे थेट प्रक्षेपण डीडी स्पोर्ट्स टीव्ही चॅनेलाचेर जातले.

इराण अणू बसका - ९०

इराण आनी तीन युरोपीय देशांमदलो अणुप्रस्नाच्या चर्चेचो तिसरो पावंडो आयज स्वित्झर्लंडातल्या जिनिव्हात परतून सुरू जातलो. ह्या दोन दिसांच्या बसकेत इराण, जर्मनी, फ्रान्स आनी ब्रिटन तशेच युरोपियन युनियनचे प्रतिनिधी लेगित वाटेकार जातले. तेहरानाच्या सर्वोच्च हिताचेर विचार केल्यार इराण अस्तंती देशां कडेन आपल्या अणुकेंद्रीय कार्यावळी विशीं भासाभस करपाक तयार आसा, अशें विदेश मंत्रालयाच्या म्हणया-यो फतेमेह मोहजेरानी हांणी म्हळे. ही बसका फाटल्या बसकेत जाल्ल्या चर्चेचो विस्तार आसतलो अशें इराणच्या विदेश मंत्रालयाचे म्हणयारे इस्माइल बघेई हाणी म्हळा. इराणाच्या सहकार्याच्या उणावाक जाप दितना ब्रिटन, फ्रांस आनी जर्मनीन अमेरिकेच्या आदारान प्रस्तावीत केल्ल्या थारावाच्या मसुद्या उपरांत ही बसका जाता.

विजय हजारे - ६०

हरियाणा, कर्नाटक, विदर्भ आनी महाराष्ट्र ह्या पंगडानी विजय हजारे ट्रॉफीच्या उपांत्य फेरीयेत आपले स्थान निश्चित केला. काल वडोदरातल्या कोटाम्बी स्टेडियमात जाल्ल्या क्वार्टर फायनलींत, हरियाणान गुजरात पंगडाक २ गड्यानी हारयले. तशेच वडोदरातल्या मोती बाग स्टेडियमाचेर जाल्ल्या खेळात

विदर्भान राजस्थान पंगडाक ९ गड्यानी हारयले. उपांत्य फेरीचे खेळ मंगळार आनी बुधवारा खेळतले तर निमणो खेळ १८ जानेवारीक जातलो.

क्रिकेट - ६०

बायलांच्या भारता आनी आयर्लंड पंगडामदी चलतल्या तीन खेळांच्या एकादिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेत काल दुसऱ्या खेळात भारतान आयर्लंडाक ११६ धावंड्यानी हारयले. ह्या जैतासयत भारतान २-० अशी आघाडी घेतल्या. गुजरातातल्या राजकोटात जाल्ल्या ह्या खेळात पयली फलंदाकी करताना भारतान निर्धारित ५० षटकांत ५ बाद ३७० धावंड्यो केल्यो. जेमिमा रॉड्रिग्ज हिणे शेकडो मारताना १०२ धावंड्यो केल्यो. आयर्लंड पंगडाक ७ बाद २५४ धावंड्योच करप शक्य जाले. आता बुधवारा ह्या खेळामाळेतलो निमणो खेळ जातलो.

हवामान - १००

पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी अस्तंत राजस्थानांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी शियाचे ल्हार चालूच उरतले असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. देशाच्या उत्तर, उदेंत आनी ईशान्य राज्यांनी फुडले २ दीस सकाळ आनी रात दाट धुकें पातळूंक शकता. फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे हांगा गडगड मारून पावस पदपाचो अदमास खात्यान उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांत वायव्य, मध्य आनी अस्तंत भारताचेर उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा पूण तीन दिसांनी परतून 2 ते 4 अंश सेल्सियस वाडटले. देशाच्या उदेंत वाठारांतलें उण्यांत उणें तापमान फुडल्या 2 दिसांत 2 ते 3 अंश सेल्सियस वाडूंक शकता.